# लोकांक न्हयांनी न देवपाची शिटकावणी

ता. 19 सप्टेंबर 2017
28 भाद्रपद 1939

गोंयातली साळावली आनी अंजूणे ही मुखेल धरणां तशेंच आमठाणे, पंचवाडी आनी हेर ल्हान धरणां पुराय भरिल्ल्यान ह्या धरणांचे अतिरिक्त उदक न्हयांनी सोडटले. अंजूणे धरणाचे उदक सुकतेच्या वेळार सोडपाचो प्रयत्न जातलो.

सध्या गोंयात नेटाचो पावस पडटा आनी धरणांसयत न्हयों उपाट भरून वाव्हतात. उटंगाराचो पावस पडिल्ल्यान न्हयांतल्या उदकाची पातळी अकस्मात वाडपाची शक्यता आसता, ते खातीर लोकांनी न्हयांनी देवपाचे टाळचे, अशी शिटकावणी उदकास्त्रोत खात्यान दिल्या.